

# श्री विजयकुमार नझारेची अमेरिकन शिश्यवृत्ती खातीर निवड

श्रीमती पार्वताबाई चौगुले महाविद्यालयाच्या उच्यमाध्यमीक विभागांतल्या रसायनशास्त्राचे अध्यापक श्री विजयकुमार नझारे हांची अमेरिकेंतल्या माध्यमीक तशेंच उच्यमाध्यमीक मळावयली प्रतिश्टेची 'फुलब्रायट शिश्यवृत्ती' (*A Fulbright fellowship)* फाव जाल्या. ही शिश्यवृत्ती शिक्षणीक मळाचेर सर्वोत्कृश्ट कार्य केल्ल्यांक संबंदीत मळाचेर आनीक चड फिशालकाय जोडचे खातीर दितात. Teaching Excellence and Achievement Program अंतर्गत श्री नझारे हांची निवड Bureau of Educational and Cultural Affairs (ECA) ह्या अमेरिकेच्या शिक्षण आनी संस्कृती महासंचालना वतीन फकत उपाट गुणवत्तेच्या मालवजार केल्ली आसा.

TEA. Teaching Excellence and Achievement Program ह्या शिक्षणीक उपक्रमांत संवसारांतल्या 39 देशांतल्या उत्कृश्ट शिक्षकांक वेंचून अमेरिकेंतल्या साबार विद्यालयांनी चलिल्ल्या नव्या शिक्षणीक प्रयोगांचो प्रत्यक्ष अणभव घेवपाची संद श्री नझारे हांकां ह्या शिश्यवृत्तींतल्यान मेळटली. ह्या आंतरराष्ट्रीय शिश्यवृत्ती अंतर्गत ते 31 जानेवारी ते 23 मार्च 2012 मजगती म्हणजे वट्ट स सप्तकां मुखेलतायेन अमेरिकेंतल्या दक्षिण कॅरोलिना हांगांसल्ल्या विनथ्रोप विद्यापिठांत तशेंच वॉशिंगटन डि. सी. हांगां शिक्षणीक पद्दतींतल्या आधुनीक तंत्र-मंत्रांचो अभ्यास करतले.

श्री विजयकुमार नझारे हांची ह्या प्रतिश्टेच्या शिश्यवृत्तीखातीर निवड जाल्लोखातीर श्रीमती पार्वतीबाई चौगुले महाविद्यालयाचे प्राचार्य, शिक्षक, हेर कर्मचारी आनी व्यवस्थापनान तांकां परबीं भेटयल्या.